*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**सरकार खाजगी शॅक मालकांखातीर नवीन शॅक धोरण तयार करतले**

ता. 9 जानेवारी 2020

सरकार खाजगी शॅक मालकांखातीर फुडल्या वर्सा सावन नवीन शॅक धोरण तयार करतले, अशें उतर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल आल्तिनार खाजगी शॅक मालक आनी वेगवेगळ्यां सरकारी खात्यांच्या अधिकाऱ्यांवांगडा आयोजीत केल्ल्या बसकेत उलयताना दिले.

बसकेत खाजगी शॅक मालक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. धर्मेश सग्लानी हांणी खाजगी शॅक मालकांचे प्रस्नं मांडले.

खाजगी शॅक मालकांखातीर धोरण तयार जायमेरेन खाजगी शॅक मालकांची नोंदणी पर्यटन खात्याकडेन सुरू आसतली, जेणे करून खाजगी शॅक मालकांक बऱ्यों सुविधां दिवप शक्य जातले आनी सरकाराकय महसूल मेळटलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

बसकेक पर्यटन सचिव श्री. अशोक कुमार, पर्यटन संचालक श्री. मिनिनो डिसौजा, गोंय पर्यटन विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. निखील देसाय आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/26

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA